# <u>एससी/एसटी समाजाखातीर कल्याणकारी येवजण्यों</u>

ता. 15 जून 2022

डॉ. आंबेडकर फांऊडेशनान एससी/एसटी समाजाखातीर साबार येवजण्यांची अंमलबजावणी केल्या, अशें गोंय सरकाराच्या समाज कल्याण खात्यान कळीत केला. डॉ. आंबेडकर वैजकी मदत येवजणेखाला एससी/एसटी समाजातल्या अर्जदाराक, जाची वर्सुकीं अर्थीक येणावळ 3 लाख रूपया परस चड ना ताका मुत्रपींड, काळजा दुयेंस आनी हेर शस्त्रक्रिया उपचारांखातीर अर्थीक मदत दितात. काळजा दुयेंस शस्त्रक्रियेखातीर 1.25 लाख रूपया, मुत्रपींड/डायलिसीस दुयेंस उपचाराखातीर 3.50 लाख रूपया, कॅन्सर शस्त्रक्रिया, कॅमोथॅरपी/रेडिओथॅरपीखातीर 1.75 लाख रूपया, मेंदू शस्त्रक्रियेखातीर 1.50 लाख रूपया, मुत्रपींड/अवयव शस्त्रक्रियेखातीर 3.50 लाख रूपया, कण्याचें शस्त्रक्रियेखातीर 1.00 लाख रूपया आनी जीवाक धोको आशिल्ल्या हेर दुयेंसांच्या उपचाराखातीर 1.00 लाख रूपया अर्थीक मदत दितात.

डॉ. आंबेडकर राष्ट्रीय एससी/एसटी अत्याचार मदत येवजणेखाला खून, बलात्कार, जाळपोळ अशां अघोरी अत्याचाराक बळीं पडिल्ल्या एससी/एसटी समाजातल्या अर्जदाराक 5 लाख रूपया मेरन मदत दितात.

डॉ. आंबेडकर सामाजीक एकात्मता येवजणेखाला आंतरजातीय लग्नाखातीर अर्थीक मदत दितात. हे येवजणेचो लाव घेवपाखातीर अर्जदार गोंय राज्यांतलो निवासी आसपाक जाय. घोव-बायल एका वर्सा परस चड काळ एकटाय रावपाक जाय आनी एक जोडीदार एससी आसपाक जाय. आंतरजातीय लग्न जाल्ल्या अशा जोडप्याखातीर 2.50 लाख रूपया मदत दितात. चड म्हायती खातीर www.ambedkarfoundation.nic.in चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/412

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji